Panaji National 25th May 2026 8.40am

1. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज राष्ट्रपती भवनांत पद्म पुरस्कार भेटयतल्यो.
2. अस्तंत बंगालांत, फलटा विधानसभा मतदारसंघा खातीर जाल्ल्या फेरमतदानात भारतीय जनता पार्टीचे उमेदवार देबांशु पांडा हांणी घसघशीत जैत मेळयलां.
3. आज पेट्रोलच्या दरात प्रति लिटर २ रुपये ६१ पैसे, तर डिझेलच्या दरात प्रति लिटर २ रुपये ७१ पैशांची वाढ केल्या.
4. नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन (NTA), ह्या म्हयन्याच्या २८ तारखेर जावपी CUET UG २०२६ ची परीक्षा फुडें धुकलल्या.
5. आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल जाल्ल्या निमण्या लीग खेळात दिल्ली कॅपिटल्सन कोलकाता नाइट रायडर्सक ४० धावंड्यांनी हारयले.

Prez

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज राष्ट्रपती भवनांत 66 नामनेच्या व्यक्तींक 2026 वर्साचे पद्म पुरस्कार भेटयतल्यो. ह्या सुवाळ्यांत उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी गृहमंत्री अमित शाह हेय हाजीर आसतले. आज दोन पद्मविभूषण, ६ पद्मभूषण आनी ५८ पद्मश्री पुरस्कार दितले. राष्ट्रपतींनी 2026 वर्सा खातीर पांच पद्म विभूषण, 13 पद्मभूषण आनी 113 पद्मश्री पुरस्कार सयत 131 पद्म पुरस्कार दिवपाक मान्यताय दिल्या. उरिल्ले पद्म पुरस्कार उपरांत जावपी सुवाळ्याच्या दुसऱ्या फेरयेंत दितले.

दर वर्सा प्रजासत्ताक दिसा पद्म पुरस्कार जाहीर करतात. हो प्रतिश्टीत नागरी सन्मान कला, जनहीत आनी समाजसेवा, साहित्य आनी शिक्षण, विज्ञान आनी अभियांत्रिकी, वेपार आनी उद्देग, वैजकी, खेळ, आनी हेर मळार केल्ल्या खाशेल्या योगदाना खातीर दितात.

Jaishankar

विदेश मंत्री डॉ. एस जयशंकर आनी अमेरिकेचे परराष्ट्र मंत्री मार्को रुबियो हांणी काल नवी दिल्लींत वेग वेगळ्या विशयांचेर सविस्तर चर्चा केली. भारत-अमेरिका धोरणात्मक भागीदारीच्या सामर्थ्याचो तांणी पुनर्रउच्चर केलो. प्रतिनिधीमंडळ पांवड्यार जाल्ल्या भासाभाशे उपरांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना डॉ. जयशंकर हांणी वेपार कबलात बेगिनांत बेगीन पुराय करपाचे गरजेचेर भर दिलो, उर्जा वेपारांतल्या विस्ताराक येवकार दिलो आनी भारताचे उर्जा सुरक्षे खातीर विविधताय आशिल्ली उर्जा पुरवण म्हत्वाची आसा अशें स्पश्ट केलें.

WB

अस्तंत बंगालांत, फलटा विधानसभा मतदारसंघा खातीर जाल्ल्या फेरमतदानात भारतीय जनता पार्टीचे उमेदवार देबांशु पांडा हांणी घसघशीत जैत मेळयलां. पांडा हांणी एक लाख णव हजारां परस चड मतांनी ही सुवात जिखली. तृणमूल काँग्रेसच्या उमेदवाराची चौथ्या सुवातेर घसरण जाली आनी ताचे डेपॉझिट लेगीत जप्त जाले. अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणुकीच्या मतदाना वेळार व्हड प्रमाणांत गैरप्रकार जाल्ल्याच्या आरोपां उपरांत वेंचणुक आयोगान फलटांत फेरमतदान करपाचे आदेश दिल्ले. हें फेर मतदान ह्या म्हयन्याच्या २१ तारखेर जाल्लें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, फाल्टा विधानसभा मतदारसंघात जाल्ले फेरवेंचणुकेंत विक्रमी अंतरान जैत मेळयल्ल्या खातीर  भाजपा उमेदवार देबंगशु पांडा हांका परबीं दिल्यात.

Fuel

आज पेट्रोलच्या दरात प्रति लिटर २ रुपये ६१ पैसे, तर डिझेलच्या दरात प्रति लिटर २ रुपये ७१ पैशांची वाढ केल्या; फाटल्या दोन आठवड्यांमधली ही चौथी दरवाढ. हाका लागून, दिल्लीत आता पेट्रोलचो दर प्रति लिटर १०२ रुपये १२ पैसे, तर राष्ट्रीय राजधानीत  डिझलचा दर प्रति लिटर ९५ रुपये २० पैसे इतलो आसतलो.

Karnataka

भाजपचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांच्या कालच्या पयल्या कर्नाटक भोंवडेर तांणी पक्षाचे कार्यकर्ते आनी आमदारां बरोबर जायत्यो बसका घेतल्यो आनी उपरांत एक कोअर कमिटीची बसका घेतली.

माध्यमांक माहिती दितना भाजपचे ज्येश्ठ फुडारी सी. टी. रवी हांणी म्हळां की, राष्ट्रीय अध्यक्षांनी बेंगळुरूंतल्या पांच महानगरपालिकांच्यो वेंचणुको, पंचायत वेंचणुको आनी येत्या दोन वर्सांत राज्यात जावपी विधानसभा वेंचणुकां सयत फुडल्या वेंचणुकां खातीर पक्षाच्या धोरणांचेर चर्चा केली. तांणी सांगलां की सध्या २२ राज्यांनी भाजपचें सरकार आसा, संसदेत ४०० परस चड खासदार आसात आनी वेग वेगळ्या राज्यांच्या विधानसभेंत २,००० परस चड आमदार आसात, तशेंच कर्नाटकांत संघटना घटमूट करपाक कार्यकर्त्यांक सांगलां.

NTA

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन (NTA), ह्या म्हयन्याच्या २८ तारखेर जावपी 'कॉमन युनिव्हर्सिटी एन्ट्रन्स टेस्ट अंडरग्रेज्युएट' (CUET UG) २०२६ ची परीक्षा फुडें धुकलल्या. एनटीएन सांगलां की सरकारी परिपत्रका प्रमाण ईद-उल-जुहा' (बकरीद) परबेच्या सुटयेच्या तारखेत जाल्ल्या बदलाक लागून हो निर्णय घेतला. एजन्सीन कळीत केलां की प्रभावित उमेदवारां खातीर परीक्षेची नवी तारीख बेगीनच जाहीर करतले. तशेंच उमेदवारांनी ह्या बाबीची दखल घेवन ते प्रमाण फुडली कार्यवाही करची असो सल्ला दिला. ते भायर उमेदवारांनी नेमान एनटीएच्या अधिकृत संकेतथळाक भेट दिवची अशी सुचोवणी संस्थेन केल्या.

CBSE Date

केंद्रीय माध्यमिक शिक्षण मंडळान (CBSE) १२ वीच्या बोर्ड परीक्षेच्या उत्तरपत्रिकांच्यो स्कॅन केल्ल्यो फोटोकॉपी मेळवपाची निमणी तारीख आनीक एक दीसान म्हळ्यार आयज मेरेन वाडयल्या. सीबीएसईन सांगलां, विद्याथ्र्यांक आपले अर्ज दाखल करपाक फावो तो वेळ मेळचो म्हणून हो निर्णय घेतला. बोर्डान उमेदवारांक हे वाडयल्ले

मुदतीचो लाभ घेवपाचो आनी त्या प्रमाण आपले अर्ज सादर करपाचो सल्लो दिला. पुनर्मूल्यांकनाचे अर्ज स्विकारपाची सुरवातीची तारीख बेगीनच कळीत करतले, अशें बोर्डान सांगलां.

Pradhan

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी केंद्रीय माध्यमिक शिक्षण मंडळ-सीबीएससीक (CBSE) त्रुटीमुक्त पुनर्मूल्यांकन प्रक्रिया सुनिश्चीत करपाक मदत म्हणून भारतीय तंत्रज्ञान संस्था-आयआयटी (IIT) मद्रास आनी आयआयटी कानपूरच्या प्राध्यापक आनी तांत्रीक तज्ञांचो एक पंगड नेमपाचे निर्देश दिल्यात. हो निर्णय सीबीएसईच्या निकाल-उपरांतच्या सेवा पोर्टल संबंदान घडिल्ल्यो घडणुको, तशेंच विद्यार्थी आनी पालकांनी उक्तायिल्ले हुसक्यांच्या फाटभुयेर घेतला. दोनूय आयआयटींतले तज्ञ पंगड प्रणालींत तंत्रीक सुदारणां चालीक लावपाक आनी खासा करून पोर्टलाची स्थिरताय आनी सर्वरांचें सुरळीत काम करपाची तपासणी करतले अशें शिक्षण मंत्रालयान एका निवेदनांत सांगलां.

Pradhan Nirmala

सीबीएसईच्या निकाल-उपरांतच्या आनी पुनर्मूल्यांकन प्रक्रियें वेळार विद्यार्थ्यांक हालींच्या काळांत विद्यार्थ्यांक येवपी तांत्रिक आनी पेमेंट संबंदीत प्रस्नांच्या फाटभुंयेर केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी काल केंद्रीय अर्थ आनी कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्री निर्मला सीतारमण हांचे कडेन चर्चा केली. हे चर्चेंत स्टेट बँक ऑफ इंडिया, बँक ऑफ बडोदा, कॅनरा बँक आनी इंडियन बँक, सीबीएसईक तांच्या पेमेंट गेटवे रचणूक घटमूठ करपाक आनी परीक्षा-उपरांतच्या सेवांच्या पोर्टल कडेन गरजेचे एकत्रीकरण करपाक मदत करतलीं असो निर्णय घेतला अशें शिक्षण मंत्रालयान सांगलें.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) न आयज आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाबांतल्या कांय वाठारांनी उश्णतेच्या लाटे खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला. येता त्या दोन ते तीन दिसांत दिल्ली, अस्तंत उत्तर प्रदेश, बिहार, छत्तीसगढ, उदेंत राजस्थान, झारखंड, ओडिसा आनी तेलंगणा वाठारांत लेगीत अशीच परिस्थिती आसतली.

हवामान खात्या प्रमाण, आयज नागालँड, मणिपूर, मिझोरम, त्रिपुरा, अंदमान आनी निकोबार जुंवें, तमिळनाडू, पुद्दुचेरी, करायकल, केरळ, माहे आनी लक्षद्वीपांतय व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.

IPL

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती कोलकातातल्या ईडन गार्डन्सात जाल्ल्या निमण्या लीग खेळात दिल्ली कॅपिटल्सन कोलकाता नाइट रायडर्सक ४० धावंड्यांनी हारयले. दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान कोलकाता नाइट रायडर्स मुखार २०४ धावंड्यांची मोख दवरील्ले. उपरांत, कोलकाता नाइट रायडर्स पंगडाचो डाव १८.४ शटकात १६३ धावंड्यातूच सोपलो. कुलदीप यादवाक Player of the Match म्हूण जाहीर केलो.

आयपीएल क्रिकेटांत राजस्थान रॉयल्सान काल वानखेडे स्टेडियमाचेर जाल्ल्या खेळांत यजमान मुंबय इंडियन्साक 30 धांवड्यांनी हारयलो आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू, गुजरात टायटन्स आनी सनरायजर्स हैदराबाद हांचे बरोबर ह्या हंगामांतल्या प्लेऑफांत सुवात मेळोवन, गुणतालिकेत चवथी सुवात मेळयली.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीरयोग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा.

अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.